Panaji

National

03 APRIL 2026

6:30 PM

आकाशवाणी पणजेच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं प्राप्ती गांवकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.
केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी  जन विश्वास विधेयक 2026 संमत जाल्ल्याची तोखणाय केल्या. जन विश्वास विधेयक 2026 संसदेंत संमत जावप हें भारताचें व्हडलें पावल अशें  ताणी उत्तायला. संसदेंत 'जन विश्वास विधेयक 2026' संमत जावप हें भारतान जिणेन आनी वेवसायांत सोंपेंपण हाडपाक गती दिवपाचे दिकेन घेतिल्लें व्हडलें पावल अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलां.

भारतीय नौदलान आयज विशाखापत्तनम नौदल गोदींत आयएनएस तारागिरी ही स्टेल्थ फ्रीगेट सुरू केली. केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान ह्या सुवाळ्याचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळें. ताण आशिल्ल्या वेळार नौदळान वेपारी जहाजां आनी तेल टँकरांची राखण केल्या अशें तांणी उत्तायले

2047 मेरेन भारतान विकसीत राश्ट्र जावपाच्या ध्येयांत दर्यावेली शक्त मुळाव्या स्थानार आसा अशें संरक्षण मंत्र्यान ह्या सभाक संबोधीत करतना सांगलें, देशाची दर्यादिग 11 हजार किमी. भारताचो सुमार 95 टक्के वेपार दर्यामार्गांतल्यान जाता, जाल्यार उर्जा सुरक्षाय दर्याचेर आदारून आसता. देखून घटमूट नौदलाची गरज आसा हाचेर भर दिलो.

एलपीजी आनी हेर पेट्रोलियम उत्पादनांचें संग्रहण आनी गैरवेव्हारांचेर आळो घालपाखातीर राज्य आनी संघराज्यांक गरजेची कारवाय करपाचे केंद्राचे आदेश आसात. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयाचे सचीव डॉ नीरज मित्तल हांणी हे संबंदी सगल्या राज्यांक आनी केंद्रीय प्रदेशांक पत्र बरयलां. कांय वाठारांनी चुकीचे म्हायतीक लागून लोकांचो हुस्को वाडला आनी भियेवन चड खरेदी करपाच्यो घडणुको निर्माण जाल्यात अशें तांणी सांगलें.  तशेंच राज्यांक गरजे भायर भंय निर्माण करपाक शकता अशी चुकीची म्हायती पातळपा आड खर जतनाय घेवपाचो ताणी सल्लो दिला.

जन विश्वास विधेयक, 2026 त हाडिल्ली सुदारणा कायदे सोंपे करपा खातीर आनी दंडाची भिरांत उणी करपा खातीर म्हत्वाचें पावल आसा अशे वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी म्हणाला .जन विश्वास विधेयकांतल्यान पयलेच खेपे 79 कायद्यांतल्यान एक हजार गुन्यांव गुन्यांवमुक्त केल्यात अशें गोयल हांणी सांगलें. विकसीत भारत 2047 च्या देशाच्या प्रवासांत हें विधेयक म्हत्वाचें मार्गदर्शक फातर थारता अशें तांणी सांगलें.

नरेंद्र मोदी सरकारान सामान्य मनीस, ल्हान वेवसाय, स्टार्टअप आनी उद्देजकांचेर दाखयल्लो विस्वास हो कायदो दाखयता अशें  ताणी म्हणाला.

शिक्षण मंत्रालयान, युजीसीच्या सल्ल्यान, राष्ट्रीय शैक्षणिक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशदेक (एनसीईआरटी) एक वेगळया वर्गाखाला विद्यापीठ मानपी संस्था म्हणून जाहीर केलां. संशोधन कार्यावळी तशेंच डॉक्टरेट आनी अभिनव शैक्षणिक कार्यावळी सुरू करपा खातीर योग्य पावलां घेवपाचो निर्देश मंत्रालयान एनसीईआरटीक दिलो.

<u>खेळ</u>

भारतीय प्रीमियर लीग क्रिकेट खेळांत, सनरायझर्स हैदराबाद संघान काल रातीं कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर कोलकाता नाईट रायडर्स संघांक 65 गुणांनी हारयलो.आयज, चेन्नई सुपर किंग्स आनी पंजाब किंग्स हांचे मदीं एम. ए. चिदंबरम स्टेडियम, चेन्नई हांगा सांजेच्या 7.30 वरांचेर सामना जातलो.

<u>हवामान</u>

भारतिय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसां खातीर अस्तंत उत्तर प्रदेश, गुजरात, विदर्भ, उदेंत मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, ओडिशा, तेलंगणा, केरळ आनी ईशान्य राज्यां वांगडा वादळी पावसांसयत जोगला पडपाची शक्यताय उक्तायल्या.  तशेंच दर्यादिगेवेल्या आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, तामिळनाडू, पुद्दूचेरी हांगां फुडल्या दोन ते तीन दिसां खातीर अशीच परिस्थिती तिगून उरपाची शक्यताय उक्तायल्या. ओडिशा आनी पश्चिम बंगालांत फाल्यां मेरेन गरम आनी दमट हवामान आसूं येता असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.